

# साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा

## कथापाठांतलीं अध्ययन लेखनां

आशावादि प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा

## (कथापाठांतलीं अध्ययन लेखनां)

संः वल्ली क्वाड्रस

**Sallakachea Sirivontacheo Kotha** - *A collection of papers presented on the short stories of Sirivont in KATHAPATT Series IV (National webinars held in July 2023) edited by* ***Valley Quadros*** *and published by* ***Ashawadi Prakashan****.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN


| | |
|---|---|
| First Edition | : 2023 |
| Copies | : NA |
| Cover | : Ashawadi |
| Layout | : Enigma, Goa |
| Pages | : 40 |
| Price | : NA |

*For communication* **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# आशावादी प्रकाशन

## यदाहं जीवमि, अहमाशंसे (जीव आस्तासर भरवस्तां)

**२००२**
**आशावादी** (वल्ली क्वाड्रस)

**२००३**
**च्यार मुखां** (वल्ली क्वाड्रस)
**जिविता सोभाण** (जोरजी पींत आयकोळ)
**खिळो** (वल्ली क्वाड्रस)

**२००४**
कटपुतळी (वल्ली क्वाड्रस)
कयद्याच्यो कविता (एच्चेम)
**व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाळ्या** (आंड्र्यू डी'कुन्हा)

**२००५**
**विंचणार चिंताप आनी भगणां** (जेम्मा पडील)
**सतां आनी खतां** (वल्ली क्वाड्रस)
**सरगावयली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)
**कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी** (वल्ली क्वाड्रस)
**मोतियां आनी तारां** (वेवेगळे कवी)
**कवितापाठ – १** (वल्ली क्वाड्रस) **

**२००६**
**पाटीं गांवाक** (वल्ली क्वाड्रस)
**बामुणांचें चेडूं** (एच्चेम)
**दरभारांतली पिंरगोण** (वल्ली क्वाड्रस) **
**दरयाक उदाक** (वल्ली क्वाड्रस)
**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (वेवेगळे कवी)

**२००७**
**आडोसांतलीं फुलां** (आसटीन डी'सोज प्रभू)
**आटव्या रंगाचो धोणू** (मेलवीन जे. वास)
**शिंपडलेलीं मोतियां** (वल्ली क्वाड्रस)
**मुखां पाटलीं रुपां** (अनील पेनाल)
**मोळबावयलीं स्वपणां** (वल्ली क्वाड्रस)
**कुल्कुलो** (सिज्येस ताकोडे)
**तिंतेरांत पिंतुरां** (वेवेगळे कवी)
**काळोक नातल्लो गांव** (वल्ली क्वाड्रस)

**२००८**
**म्हौंव आनी मूस** (मेलवीन पिंटो नीरुडे)

**२०१७**
**बंध** (वल्ली क्वाड्रस) **
**अपवित्र संबंध** (वाल्टर लस्रादो)
**सरगावयली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)
**बजार** (कानडी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)
**मुगदनातलीं गितां** (वल्ली क्वाड्रस)
**मोनी बोब** (जोन सुंटिकोप्प)
**मुखामुखी** (वल्ली क्वाड्रस)

**२०१८**
**बजार** (नागरी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)
**पाटीं परतल्लीं ल्हारां** (वाल्टर लस्रादो)
**तान** (प्रसन्न निड्डोडी)
**बायील बम्मुणू** (वसुधा प्रभू)
**सुक्की भरती** (वल्ली क्वाड्रस)
**पडबिंब** (रीटा आल्भुकर्क)
**काळजा उडी** (रोशुबाबा, बारकूर)
**चाबूक आनी हेर कथा** (रोनी मोंतेरो)
**परनो रूक आनी तरनी वाल** (एवरी पांगळा)
**शिमटी आनी हेर कथा** (स्टेनरो अजेकार)

**२०१९**

**कंगाल कुक्केहळ्ळी मत्तू कतेगळू** (वल्ली क्वाड्रस)
**एक नवो संसार** (माचेतन कापुचीन) **

**२०२०**

**नवी दिशा** (मोनिका डे'सा मथायस)
**फांत्यापाराचें सपण** (वाल्टर नंदळिके)
**कोंबो आनी झूज** (स्टीफन पिंटो)

**२०२२**

**पडसाद** (वल्ली क्वाड्रस)

**२०२३**

**आटवो सूर** (सलोमी मियापदव)
**पानांच फुलां जाताना** (मोनिका डेसा)

** कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमिचो उत्तीम पुसतक पुरसकार लाभला

# मांडावळ

आमीं आमकांच पर्की जाल्यांव (प्रस्तावन) .................................... 8

जेरोम सिरिल वॅगस .................................................................. 12

सिरिवंताच्यो कथा ................................................................. 13

साळक प्रकाशनाचो वावर .................................................. 15

साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा (वल्ली क्वाड्रस) ........................... 17

सिरिवंताच्या कथेंत अस्तुरी (फेल्सी लोबो देरेबैल) ........................ 25

सिरिवंताचीं हास्य बर्पां (फ्लाविया आल्भुकर्क) .................................33

# धिन्वास

कथापाठ शिंकळ–४ चलवन व्हरुंक आधार दिल्ल्या तुमकां

**मानेस्त मायकल डिसोज, दुभय**

**मानेस्त दोःआसटीन डिसोज प्रभू, चिकागो**

# कथापाठ शिंकळ–४ मांडून हाडपी

## आशावादी प्रकाशन & धेंपे कोलेज, गोंय



## सहभागित्व

श्री मल्लिकार्जून कोलेज, गोंय

कार्मेल कोलेज, गोंय

रोसरी कोलेज, गोंय

फा।आग्नेल कोलेज पिलार, गोंय

# आशावादी प्रकाशनाचीं डिजिटल पुस्तकां

## डिजिटल ई-पुस्तकां (२००५ थावन)

२००५

**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (कविता, कन्नड)

२०२०-२०२२

**लोकडावन** (कन्नड, नागरी, रोमी)

**पयणारी जर्नल** (कन्नड)

**पयणारी जर्नल** (नागरी)

**पयणारी जर्नल** (रोमी)

**सूरयो उदेला** (कथा संकलन: कन्नड)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (कन्नड)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (नागरी)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (रोमी)

**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)

**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)

**नवी दिशा** (मोनिका डे'सा, नागरी)

**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, नागरी)

**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, कन्नड)

**सिसिफस तेंगशेर** (शैलेंद्र मेहता, कन्नड)

**इंद्रधोणू उर्देव** (उदय म्हांबरो, कन्नड)

**मनस्फोट** (सियालिनी फेर्नांडीस, नागरी)

**मनाचें नातें** (फिलोमेना सांफ्रान्सिस्को, नागरी)

**पडसाद** (वल्ली क्वाड्रस, नागरी)

**पडसाद** (वल्ली क्वाड्रस, कन्नड)

**क्याथरीन रोड्रिगसाच्यो कथा** (कन्नड)

**सांकव** (वल्ली क्वाड्रस, नागरी)

**सांकव** (वल्ली क्वाड्रस, कन्नड)

**अपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, कन्नड)

**अपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, नागरी)

**फांत्यापाराचें सपण** (वाल्टर नंदळिके, कन्नड)

**छाबूक आनी हेर कथा** (रोनालड मोंतेरो, कन्नड)

**सत्यकाम** (आर. एस. भास्कर, नागरी)

**तांब सूरया हांव** (प्रकाश द. नायक, नागरी)

**मायी** (सरस्वती द. नायक, नागरी)

२०२३

**कवी आनी कविता** (शरतचंद्र शेणय, नागरी)

**मौन शब्ध** (एन. बालकृषण मल्ल्य, नागरी)

**आत्मनाद** (वैषणवी पी. रायकर, नागरी)

**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (अध्ययन, कन्नड)

**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (अध्ययन, नागरी)

## डिजिटल आ(आडियो) पुस्तकां (२०१८ थावन)

**कथादायज** (२५ कथा)

**सूरयो उदेता** (२७ कथा)

**मायानगरी** (३२ कथा)

**सूरयो उदेला** (२७ कथा)

**कथामृथ** (२० कथा)

**लोकडावन** (कोंकणी कवितेचें आडियो संकलन)

## संपादन केल्लीं हेर पुस्तकां

२००३-२००६

**कुवेयटगारांचो झेलो विशेस अंको**

**कुळवाचें दायज** (कथा-कविता संकलन)

**दिवो दायज विशेस अंको**

**मित्र दायज विशेस अंको**

**२०व्या शेकड्याच्यो कथा** (कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी)

२०१९

**सूरयो उदेता** (कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी)

**विचार उचार** (कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी)

२०२०-२०२२ (कोंकणगार प्रकाशन)

**माडाथावन तेलाखणी परयांत** (ए.वेरोनिका फेर्नांडीस)

**सांकव** (वल्ली क्वाड्रस)

**मयलाफातर** (कविता संकलन)

**केनरा काथोलीक काजारांनी वोवियो** (मा।मायकल सांतुमायेर)

**नवी दिशा** (मोनिका डे'सा)

# आमीं आमकांच पर्की जाल्यांव

माताळें समजुंक गेल्यार आमच्या चिंत्नांक घुस्पोडायत पूण आमची दिस्पोडती जिणी आमी वोरावन पळेल्यार जिण्येंत आमी येदोळ चमकून आयिल्ली वाट, आनी आतां आमी उभें आसचो पांवडो आनी आमच्या फुडल्या पयणाची दिशा खरेंच जावन गयरें गयरें दिसुंक लागताना खरेंच आमकां भग्ता 'आमीं आमकांच पर्की जाल्यांव'. एक काळ आसलो; आमच्या आवय–बापायचो काळ, तेदनां आमी नेणतीं जावनासल्यांव. इसकोलांनी शिकून आसल्यांव, इसकोलाचें लिसांव मात्र न्हय, नेमाळीं, वेग–वेगळीं पुस्तकां वाचून आसल्यांव मात्र न्हय, आमी वाचल्लीं उत्तीम पुस्तकां आमी आमच्या इसटांक वांटून तांकांय वाचुंक उत्तेजन दीवन आसल्यांव. वाचप बळ आसलें जाल्ल्यान मनशाक आयकुंची, समजुंची श्याथी बळान आसली.

काळाचीं रोदां घुंवलीं, तांत्रिकतेन मनशाजिविताचेर धाड घाली आनी ही धाड इतली प्रभावीत थरान म्हळ्यार आज मनश्यालागीं वेळ ना चिंतुंक सयत. देकून मनशालागीं आयकुंची सोसणिकाय ना, समजुंची श्याथी ना, फकत उलयता (आयकुंची श्याथी ना), बरयता (वासची श्याथी ना) आनी अभिव्यक्त कर्ता (संवेदनांक ग्रासुंची श्याथी ना). साहिती/बरवपी सयत ह्याच चिंत्पांतलो मेकळो न्हय. देकून आज बरयतेले यथेश्ट मापान आसात पूण वाचतेले मात्र नांत जाल्यात. असल्या वाचपाच्या सुकिधाडेंत हेरांनी बरयिल्लें वाचुंक कोणाक मन आसा? कुंकडान अपल्याच पांयांपंदलें उसतिल्लेपरीं फकत अपूण, अपणाचें, अपणाविशीं बडाय उलयतेलेच भरोन गेल्ल्या वर्तुलांत एक संग्तेचो आमी बेपर्वो केल्लो म्हळ्यार आतांच्या यूव साहितीक अभिरूच आसच्या विध्यार्थिंचो.

कानडी लिपियेच्या साहित्यांत ग्रेस्त साहित्य आसा म्हळ्ळी गजाल हेर लिपिंच्यांक कळीत ना. कानडी लिपियेचे साहित्य रचपी म्हळ्यार चा.फ्रा.देकोस्ता, जे.बी.मोरायस, वी.जे.पी.सलडान्हा, एडवीन जे.एफ.डिसोज मात्र म्हणून चिंतचेच चड. पूण कोंकण कोगूळ विलफी रेबिंबसान बरयिल्ल्यो थोड्योच पूण अपुर्भायेच्यो कथा बरयल्यात म्हणून कथापाठ दूसऱ्या शिंकळेंत आमी अध्ययन केल्लेवेळार

विज्मीत जाल्लेच चड. हांगासर कोणायकी बोट जोकुंक जायना, कित्याक म्हळ्यार कन्नड लिपियेंत बरवंक/वाचुंक शिकलेल्यांक जशें नागरी लिपियेंत बरयिल्लें वाचुंक तितले सलीसायेन जायना तशेंच नागरी लिपियेंत बरवंक/वाचुंक शिकलेल्यांक कन्नड लिपियेंतलें साहित्य वाचुंक तितलेंच त्रासाचें. हांगासर सांकवाची गर्ज आसा.

कोंकणिंत उभे खांबे आसात, हांव/अपूण/म्हजें/अपलें म्हण फकत अपणाक केंद्रीत कर्न कर्चें काम. हें कोंकणिच्या जेराल रितिच्या वाडावळेक तीन कासांकयी योग्य न्हय. कितलिंय पुस्तकां येंवदीत, कितलेय पुरसकार व मान–सम्मान, बिरुदो मेळुंदी व कितलेय पाटलावदारिंक हे अपणांवदीत पूण जेदोळ पासत सांकव ना तेदोळ पऱ्यांत दोन तडीं मधें आशार–पाशार जावंक हेर वाटो नांत (जेदोळ पऱ्यांत मनशाक उभोंक पाकाटे नांत तेदोळ पऱ्यांत). शैक्षणीक नद्रेन सयत कानडी लिपियेंत, प्रत्येक जावन मोटव्या कथेंत खूब रितीन वावर जांवची गर्ज आसा. हो वावर लिपियंतराचो, बोलियंतराचो (एका बोलिथावन अन्येका बोलीक). साहित्य पर्गटणी एक रुपाचो वावर तर, साहित्यीक अभ्यास अन्येका प्रकाराचो वावर. शैक्षणीक वावर म्हळ्यार दुडू/नांव कमांवचेंच म्हणून चिंतलीं चड पूण धादोसकायेची गजाल म्हळ्यार गोंयांत शैक्षणीक नद्रेन साहित्यीक अभ्यास कर्चो दिश्टावो आसच्यो सभार कोलेजिच्यांनी ह्या साहित्यीक अभ्यासाक तेंको दिला.

पयल्यान पयलें हांव धिन्वास्तां दो।प्रकाश पेऱ्यंकार हांकां, जे गोंयच्या महा विध्यापीठाच्या कोंकणी विभागाचे मुखेस्त जावनासलेवेळार हांव तांकां मेळ्ळों आनी राश्ट्र म ।र कोंकणिच्या उत्तीम साहित्याक कशें एका दिशेन वा एका जाग्यार हाडचें म्हळ्ळ्या विश्याचेर खूब चर्चा केली. हाचो फळ जावन राश्ट्र म ।च्या कथेंचीं 'सूऱ्यो उदेता', तशेंच 'सूऱ्यो उदेला' म्हळ्ळीं दोन कथा संकलनां उज्वाडाक येवंक सकलीं. त्ये उपरांत दो।जयंती नायक (गोंय कोंकणी अकाडेमिच्या साहित्यीक जर्नल – अनन्याची संपादक), हिचेथावन गोंयांतल्या विशिश्ट कथाकारांची ओळोक जाली तशेंच तांच्या साहित्याचें अभ्यास करुंक एक संधी म्हाका मेळ्ळी. उपरांत बाब

माधव बोर्कर, बाब गोकूळदास प्रभू, दो।चंद्रलेख डिसोज आनी हेरांनी सयत म्हज्या साहित्यीक वावराक तेंको दिलो.

गोंयच्या श्री मल्लिकार्जून कोलेजिच्या कोंकणी विभागाचो मुखेस्त जावनासच्या दो।पूर्णानंद चारीन आशावादी प्रकाशनासवें समजीकायेचें खरार (क्टर) करून, त्या कोलेजिच्या विध्यार्थिंक कन्नड लिपियेंतल्या कोंकणी साहित्याचो अभ्यास कर्पाक एक संधी दिली देकून कानडी लिपियेच्या पत्रिकुध्यमाचेर, कानडी लिपियेच्या कवितेंचेर, कथेंचेर, गझलांचेर अभ्यास कर्चेदिशेन म्हाका बरो आवकास करून दिलो आनी हांव सभार पावटीं मल्लिकार्जून कोलेजिंत मात्र न्हय, पिलार फा।आग्नेल कोलेजिच्या कोंकणी विभागाची मुखेस्त बाय राजश्री सैल हिच्या मजतेन त्या कोलेजिंत, कार्मेल कोलेजिच्या कोंकणी विभागाच्या कोंकणी विभागाची मुखेस्त बाय क्वीनी वेगसाच्या मजतेन त्या कोलेजिंत, त्ये उपरांत गोंय महाविध्यापीठांत, बाय अंजू साखरदांडेच्या मजतेन धेंपे कोलेजिंत अशें कोंकणी साहित्याच्या वेग–वेगळ्या प्रकाराचेर उलवप/प्रबंध मांडुंक संधी मेळ्ळी. ह्याच वर्सांत आशावादी प्रकाशनान धेंपे कोलेजिसवें समजीकायेचें खरार (क्टर) केलां देकून पाटल्या तीन वर्सांनी मांडून हाडचेपरीं ह्या वर्साच्या कथापाठ चोवत्या शिंकळेंत कानडी लिपियेच्या उत्कृश्ट कथाकार जावनासल्या सिरिवंताच्या साहित्याचेर अभ्यास कर्च्या मिसांवांत दो।डेनीस वासाच्या मजतेन रोसरी कोलेजिच्या विध्यार्थिंक सयत ह्या कथापाठांत वांटेली जावंक आवकास कर्न दिलो.

सिरिवंताच्यो मोटव्यो कथा १९५० थावन २००५ पऱ्यांतल्यो. पूण सिरिवंतान बरयिल्ल्यो चडताव मोटव्यो कथा १९५० थावन १९८० पऱ्यांत देकून तो काळ, परिसर, सामाजीक परिगत, आर्थीक परिगत समजुंची सयत गर्ज. कित्याक म्हळ्यार एक कथाकार सद्द्याची परिगत विस्रोन फुडल्या पन्नास वर्साचें कल्पन करून वास्तवीक कथा बरवंक सकाना. देकून अजीक साठ–सत्तर वर्सांधीं बरयिल्ल्या कथेंक आयच्या काळार आमी तुलन करुंक जायना. पूण बदल्चीं मनशा मौल्यां, कुटमीक संबंध, नयतीक मौल्यां कशें अपलीं रुपां बदल्तात म्हणून पार्कुव्येत. सिरिवंताच्या समग्र साहित्याचेर आमी खोलायेन अभ्यास करून कथापाठाच्या

वेबिनारांनी तीं अभ्यास प्रभंधां सादर केल्लीं ह्या पुस्तकांत पर्गटल्यांत. हें अध्ययन परिपूर्ण म्हणून सांगुंक व्हचाना पूण त्या दिशेन एक मेट मात्र म्हण्येता. कोंकणी साहित्याचेर असलीं अध्ययनां गर्जेचीं. कोंकणिंत कितेंच ना म्हण दुर्सोंचें व कोंकणिंत आसचें सर्व अमृत साहित्य म्हण फट मार्ची गर्ज ना पूण आसचें बरें साहित्य ओळकोन घेंवचें मात्र न्हय, त्या साहित्याचेर अभ्यास कर्चो आमचो कायदो. पूण अधुरेंच उर्ता एक सवाल – हेरांचें बरें साहित्य ओळकोंक एक बरें चिंतप, आनी एक बरी दीश्ट गर्जेची. ती रचुंक येदोळ कसलिंच यंत्रां मनशान सोधून काडुंक नांत.



**वल्ली क्वाड्रस** (संपादक – पयणारी.कोम)

# जेरोम सिरील वेगस



१९४० फेबरेर ९ तारिकेर बंटवाळ तालुकेच्या विटल’ गांवांत जल्म.

**शिकप**: विटल इगर्जे शाळ, सर्कारी बोर्ड शाळ, मंगळूर मिलार इसकोल तशेंच सां।लुवीस हाय स्कूलांत एस.एस.एल.सी.

**१९५६**: सां। आगुस्तीन दाकटे सेमिनरिंत हिंदी, इंगलीश आनी लातीन भासेचें अध्ययन.

**१९५८**: ब्रिटीश इन्स्टिट्यूट बोंबे थावन मोटव्यो काणयो बरंवच्यांत डिपलोमा.

**१९५८–१९६१**: बिहारांतल्या रांचिंत तत्वशासतिराचें आनी देवशासतिराचें शिकप.

**१९६६**: ममशक्ती कमलनाथ ध्येयाखाल साळक प्रकाशनाची सूरवात.

**१९७५**: अखील भारतीय साहित्य परिशदेथावन सन्मान.

**१९७९**: जुलियाना डिसिलवासवें लग्न.

**१९८०**: सैंट एवियर्स कोलेज बोंबे थावन पत्रिकुध्यमांत डिपलोमा.

**१९९३**: ’मांड सोभाण’ थावन ’साहित्य सिरी’ बिरूद.

**१९९७**: कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमिचो पुरसकार.

**२००१**: दायजी दुभाय साहित्यीक पुरसकार.

**२००२**: संधेश पुरसकार.

**२००६**: नवेंबर ५ तारिकेर देवाधीन.

# सिरिवंताच्यो कथा

## कथा आनी स्तां (१९७०)

नमान तुमकां!
आशा आनी स्वपाण
काजाराक जाल्ली चली
पास्खांच्ये रातीं
एक समस्या
म्हाकाच तुमी केलें!
कस्ताळ उसतिताना
मोली आनी जसिंता
नवो आवस्वर
दुरबळो जेमी

कुमारी मारलीन सोफी
अपहर्सिल्लें समधान
मोळबा पंदा
स्त्रीयांची सायकोलोजी
आवयची आशा
तें घर
फारिकपण
तुजें कापाड भिजलां
एक ब्लेंकेट मात्र!
जिवंत्पण

## हेर कथा (१९७०–८०)

सयरिके उपरांत
माडतीर जिणी
समाधी वयलीं उत्रां
समधान तुमकां
मोलिचे दोळे

मोडां नातल्ल्या दिसा
दोती खातीर
स्मारक दीस
अधीक ल्हान भाव

## मोगाच्यो कथा (१९७३)

तुजे खातीर राख्तात
एका नव्या संसाराक
संतोसाच्या दुखां मधें
धुळिचीं मोडां मात्र
विस्रोन गेल्ले उगडास

सर्गार पुणी आस्तेलें
फाल्यां हांव रडतालों
त्याग संपूर्ण जालो
हांव भागी जातलों

## **परिवर्तन आनी इतर कथा** (१९७७)

परिवर्तन
दुःखां
भविषयाचे वाटेन
देवाचें राज
हाय कृषण!
धन्यागेली सयरीक
मोगाची काणी
मरीया
पावसाच्या थेंब्याबरी
ती आवय
लागशिलो संबंध
येंवचा संसारांत

## **मधुचंद्र** (१९७२)

**निरीक्षा** (अखेरिची कथा)

# **साळक प्रकाशन** (१९६६–२००६, २००६–२००८)
# साळक प्रकाशनाचीं ८८ पुस्तकां

झेलीन आनी डीना

हांव चुकोन पडोंक्ना

भुंय कमळां

देवान विंचल्लें फूल

फुलां आनी पाकळ्यो

चार दीस पांच राती

आशा भागयली

तो ताका आशेलो

ल्हान चलियेची काणी

कथा आनी सतां

फातिमाचें फूल जासिंता

राजद्रोही

तांबडी पितूळ

तोरिची दाळ

बचावेची चावी

लारां आनी तारां

सत आनी जिवीत

वार्सेलिनो

पाळल्ली भास

लिमाचो भुर्गो

गुलोब आनी साळकां

जुदासांक कुरोव

पेट आनी पाळणें

फुलांची दाली

रुज्वात

तुंवें म्हाका रचलोय

जोवळी वज्रां

निमाणी आशा

मोग आनी जिवीत

मोगा म्हाका शिकय

बलिदान

तूं सुखी जा

एक मनीस दोन सावळ्यो

फ्रान्सीस सावेर

| | |
|---|---|
| सर्दारांचें सन्निदान | एक अधुरें पिंतूर |
| बेळतंगडिचो बाल्ताजार | परिवर्तन आनी इतर कथा |
| मधुचंद्र | आक्रमी जाळ |
| विलफिचीं पदां | तुवें नेगार केलेंय |
| मार्गरीत मरी | सुखी काजारी जिवीत |
| जिविताचीं पानां | शरीर रचन आनी सुखी कुटाम |
| दोन थेंबे दुःखां | हांव संसाराक विसरलों |
| मोगाच्यो कथा | प्रख्यात पदां |
| अंदकारा उपरांत | मोगा म्हाका झळयनाका |
| सोभीत सुंदर फूल | कीर तूं म्हजो |
| स्वपाण खरें जालें | दार उग्तें जालें |
| ल्हान गायकी | सिसटर शोभा |
| चल्चें मोडें | काजारी मोगाची कला |
| किन्नरी कथा | म्हजा स्वपणांची राणी |
| किटाळ | बांधून दिल्ली व्होकाल |
| युवजणांची खुर्सा वाट | बंदडेचें दायज |
| लग्नाचो मोग | सोवो सुंर्गारून |
| जिविताची सतां | आशा आनी निराशा |
| सलवाल्लें सत | वेळ–घडी (पांच भाग) पयलो छापो. |

सुखी काजारी जिवीत (दुस्रो छापो)

My Book of Daily Prayers

Preparing for my Holy Communion

Holy Communion Prayer Book

दीन नित्यद प्रार्थनेगळू

Jesus The Rebel

Holy Family Prayer Book

Facts of Life

Gems for Better Living

Obituary Cards (Calvary Cards)

रुचिकर मांसाहार अडिगे

## (२००६ उपरांतलीं पुस्तकां):

**विंचणार रुचीक रांदपां** (पयलो छापो)

**वेळ–घडी** (पांच भाग) – दुस्रो छापो.

**विंचणार रुचीक रांदपां** (दुस्रो छापो)

**सिरिवंताची लिकणे मोत्यां**

**विंचणार रुचीक रांदपां** (तिस्रो छापो)

# साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा




**ममशक्ती कमलनाथ** (देवच म्हजी सकत) ध्येयाखाल १९६६ इस्वेंत सुरू जाल्लें 'साळक प्रकाशन'. पूण कन्नड लिपियेचें कोंकणी साहित्य १९१२-३ इस्वेंत सुरू जाल्लें. कोंकणी दिर्वें, राकणो, समाजेचो दिवो म्हळ्ळीं नेमाळीं आसलीं पूण सूरविल्या चडताव काळार धर्मीक बर्पांच पर्गटून येतालीं कित्याक म्हळ्यार देशाची राज्वटकी ब्रिटिशांच्या हातीं आसली. १९४७ इस्वेंत देशाक स्वातंत्र लाभल्या उपरांत कन्नड लिपियेच्या कोंकणी साहित्याचो भांग्राळो काळ उदेल्लो. पयणारी, मित्र, झेलो, काणीक म्हळ्ळीं नेमाळीं आपापल्या शैलेंत कोंकणी साहित्याक तेंको दीवंक लाग्ताना हेर समकाळीन भासेंनी जाल्ल्येपरिंच कोंकणिंत सयत साहितीक व्हाडावळ जाली. कोंकणिचो बुन्यादिचो वावर बोंबोयंच सुरू जालो, मंगळुर्चे जायते बरयणार बोंबोंयत काम कर्न आसले.

तवळच्या सामाजीक परिगतेचो मोटवो विवर हाडचो तर, बोंबोंयत काम कर्न आसचीं चडतावां बंगल्यांनी, कुडांनी जियेतालीं. रेडियो एक माध्यम सोडल्यार हेर प्रमूक माध्यम जावनासलें नेमाळ्यांचें. देकून वाचपी आसले, दरेका हफ्त्यांनी बोंबेच्या वेग-वेगळ्या प्रदेशांनी कोंकणी नाटक, तियात्र, संगीत कार्यीं आस्तालीं आनी तीं पळेवंक लोकांची खेटयी आस्ताली म्हळ्यार एक काल्पनीक कथा जांवचिना बगार हकीगत. आर्थीक रितीन अडचण आसली. शिकपा वेवस्तेंत सयत सुकिधाड आसली. हेच वेळार मुनशी प्रेमचंदाच्यो कथा, सादत हसन मांटोच्यो कथा, टागोराच्यो कथा चड करून हेर भासेंनी अनुवादीत जावन येताल्यो. शैक्षणीक नद्रेन हेंच पुरो आसलें.

शैक्षणीक म्हणतास्तां हो विवर भोव गर्जेचो. कोणच इसकोलांनी कोंकणी भास शिकून आयिल्लो न्हय. कोंकणी नेमाळ्यांनी, कोंकणी पुस्तकांनी छापून आयिल्ल्या साहित्याक वाचून बरवंक शीकल्लीं. कोंकणी भास उलयतलो लोक, कोंकणी

साहित्याक वाचतलो लोक आसलो पूण कोंकणी साहित्य बरंवचें एक प्रयास म्हण्येत. ताचें कारण सोंपें; भासेच्या प्रामाणिकरणाचो समस्सो. एकेक नेमाळें आपलीच भास सांबाळताली जाल्ल्यान सगळ्या नेमाळ्यांनी बरंवचे बरवपी सयत त्या त्या नेमाळ्यांच्या नेमांनुसार बरयताले. आतां साळक प्रकाशनाच्या बुन्यादी चिंत्पाचेर आमी समजुयेत. सिरिवंत भासेची जाण्वाय आसलो, स्वता एक वाचपी जावन, एक संपादक जावन, तो प्रकाशक जाल्लो देकून ताच्या भासेची गिन्यान साळक प्रकाशनाच्या पुस्तकांनी उटून दिस्ता.

**झेलीन आनी डीना**: लीयो टोलस्टोयच्या कथेचे कोंकणिंत तर्जण.

कोंकणी साहित्याच्या सुर्विल्या काळार भर्पूर मापान हेर भासें थावन कोंकणिंत जाल्लें तर्जण आमकां वाचुंक मेळता. जशें पंचतन्त्राच्यो कथा आसलेपरीं कज्य्च्छ्यगफळ ब्ङ्ग ळज्फत्च्ज, अकबर–बीरबलाच्यो कथा, जानपद कथा, लोकवेद कथा तशेंच हेर प्रकाराच्यो नयतीक कथा मात्र न्हय, गोथीक कथा, युरोपाच्यो कथा तशेंच रशियन कथा कोंकणीक तर्जण जाल्यात.

सिरिवंताच्या ५२ मोटव्या कथेंक पाटल्या साडे स मयन्याथावन परत वाचून म्हज्या अध्ययांत ह्यो परीं विंगड केल्यात;

१. **समाजीक मौल्यां** (Social Value System)
२. **कुटमीक भांद** (Family Value System)
३. **नयतिकता** (Morals/Ethics)
४. **तत्वां** (Philosophical)
५. **अस्तुरेचीं वेग–वेगळीं रुपां** – कथापाठ ४.३ चेर अध्ययन आस्तेलें
६. **विडंबनां** (हास्य) – कथापाठ ४.४ चेर 'जिवितांतलो तमासो' अंकणांतल्या 'जेरी लुवीस' नांवार सिरिवंतान बरयिल्ल्या बर्पांचेर अध्ययन आस्तेलें.

भास: सिरिवंताच्या कथेंनी तशेंच पुस्तकांनी व्हापार जाल्ली भास एक सार्की आसून, शिस्तबद्द रितीन आसची जावनासा. सादीं/चाल्तीं उत्रांच व्हापारल्यांत देकून साद्या लोकांनी समजुंक सलीस जांवची भास.

शैली: नांवां नास्ताना बरयिल्ल्यो सभार कथा सिरिविअंताच्या कथाजम्यांनी आसात. नांवां नांत पूण वाचप्याक कसलोच घुस्पोड जायनासलेपरीं कथा मांडून हाडलेलें आमी पार्कुव्येत.

## १. समाजीक मौल्यां (Social value system)

कथा म्हळ्यार एक क्रियात्मक कल्पनाची उन्नावणी अशें जेराल रितीन समजुव्येत. पूण जेदनां एक कथाकार अपली समाजीक जवाभहदारी समजून घेता, तेदना अपल्या बर्पांनी ती तो अभिव्यक्त कर्ता. दोत–देण्याची पिडा, सूर–सोरो आमालाची पिडा, चोरी–लूटमार, दखो–फारिकपण, भूक–बेकारपण. सर्व काळांनी कायाम आसचे समस्से सयत त्या काळार आसले. दोतिविरोद बोंबोंयत 'सा.सू. संघ (समाज सुधारण संघ)' आसलो; मेल्की होस्पेट (मावी.जे.मिनेज, चा.फ्रा.देकोस्ता आनी हेर) आनी सभार बरवप्यांनी मुकेल्पण घेवन आसा केल्लो संघ. ह्या संघटनामुखांत्र जायतीं समाजीक सुध्रापाचीं कामां त्या वेळार जाल्लीं म्हळ्ळें आमी वाचून/आयकून आयल्यांव. दोतिविरोद चिंतप सयत तेच वेळाचें चिंतप. सिरिवंताच्या काणियांनी सयत असलीं सन्निवेशां, वा संधरब वाचुंक मेळतात.

- **काजाराक जाल्ली चली**
- **मोली आनी जसिंता**
- **दुरबळो जेमी**
- **कुमारी मारलीन सोफी**
- **अपहर्सिल्लें समधान**
- **स्त्रीयांची सायकोलोजी**
- **तुजें कापाड भिजलां**
- **सयरिके उपरांत**
- **मोलिचे दोळे**
- **दोती खातीर**

## २. कुटमीक भांद (Family value system)

मनीस एक संघजीवी, कोणच एक्सुरो जावन जियेवंक सकाना, मनशाक अपलीं म्हळ्ळीं जाय, कुटम जाय, समाज जाय. अशें मनशाक वेग–वेगळी जवाभदारी आस्ता आनी ह्या जवाभदारेंनी कुटमीक भांदाचीं मौल्यां भोव गर्जेचीं. सिरिवंताच्या

चडताव कथेंनी वेग–वेगळ्या रुपांनी कुटमीक भांदाची पिंत्रावणी केल्ली आमी पळेव्येत.

- **आशा आनी स्वपाण**
- **नवो आवस्वर**
- **एक समस्या**
- **आवयची आशा**
- **तें घर**
- **फारिकपण**
- **मोडां नातल्ल्या दिसा**
- **हांव भागी जातलों**
- **अधीक ल्हान भाव**

## ३. **नयतिकता** (Morals/Ethics)

अशें पळेल्यार एकलो कित्याक पासून कथा बरयता? कथा एक माध्यम, वाचप्याच्या मतीक पावून ताच्या चिंत्पाचेर बेसोर घाल्चोच एका कथाकाराचो शेवोट. अशें आस्ताना एका समस्स्याक परियार सुचांवचो मूळ शेवोट कथाकाराचो म्हणतच हांगासर नयतिकता गर्जेची. सिरिवंतान सयत हेंच/असलेंच काम अपल्या कथेंनी खूब बरे रितीन केल्लें दिसून येता.

- **नमान तुमकां!**
- **मोळबा पंदा**
- **कस्ताळ उसतिताना**
- **समाधी वयलीं उत्रां**
- **समधान तुमकां**
- **तुजे खातीर राख्नात**

## ४. **तत्वां** (Philosophical)

सिरिवंत तात्वशास्तीर तशेंच देवशास्तीर शीकल्लो जाल्ल्यान ताच्या सभार कथेंनी सयत तात्वीक चिंत्पाचो नियाळ, तशेंच मौल्यां दिसून येतात.

- **कस्ताळ उसतिताना**
- **नवो आवस्वर**
- **एक ब्लेंकेट मात्र!**
- **जिवंत्पण**
- **मोळबा पंदा**
- **माडतीर जिणी**
- **समाधी वयलीं उन्नां**
- **स्मारक दीस**
- **एका नव्या संसाराक**
- **धुळिचीं मोडां मात्र**
- **विस्रोन गेल्ले उगडास**
- **सर्गार पुणी आस्तेलें**
- **फाल्यां हांव रडतालों**
- **परिवर्तन**
- **पावसाच्या थेंब्याबरी**

**समाधी वयलीं उन्नां**: सिरिवंताच्या भोव फामाद जाल्ल्या कथें पयकिंतली एक. ताच्या काळार खूब लोकामोगाळ जाल्ली कथा. ह्या कथेंत खूब कथा आसात. खूब गांव, परिसर, वेक्ती, तत्वां, लिसांवां आसात. गांव–पर्गांव, ग्रेस्तकाय–गरीबी, शिकप–समजणी आसूनयी कथा भांदून हाडल्या समाधिचेर बरयिल्ल्या दोन वळिंच्या तात्वीक नियाळाच्या उन्नांचेर.

**पावसाच्या थेंब्याबरी:** (सकाळीं म्हाका जाग जाली)
– एकली स्त्री (अस्तुरी), शिरांधारिंनी वोतचा पावसा मधल्यान अर्ध्याविणग्या एका बाळश्याक हांडियेर घेवन येताली – पर्कटी एक सत्री सोडवन धर्न.
– अदृषट सांगची एक स्त्री

**ल्हान एक्ये पावले खातीर**
**कुडक्या पिंजकर वस्तुरा खातीर**
**एक पोसो तांदळा खातीर**

– 'ती' मार्गार शेवटोन पडल्ली – नित्राणान तकली घुंवोन.

यशवंत चित्तालाची 'पयण' कथा म्हाका आज पासोन धोसून आसची कथा. तवळ तवळ हांव पयणार आस्तां, म्हज्या वृत्तेक लागून पर्गांवांत आस्ताना सयत हांव सराग पयण करून आस्तालों. आनी अजीक तेत्तीस वर्सां पयलें हांवें ही कथा वाचल्ली तरयी, आज पासून म्हज्या मतिच्या पडद्यांत ती खंचून आसा. 'पावसाच्या थेंब्याबरी' कथा मोटवी पूण लांब काळ परयांत यादिंत उर्चे तसली.

**'हांव भायरास जालों'** सिरिवंताचें हास्य बरवप 'पयणारी' नेमाळ्याचेर वी.जे.पी.सलडान्हान संपादन करून पर्गट केल्लें पयलें बरवप. त्ये उपरांत सिरिवंतान अपली लिखणी रावयिल्लीच ना. 'विशाल कोंकण', 'झेलो', 'मित्र', 'राकणो', 'आमची मांय', 'जेजू राय'.... अशें सिरिवंत 'रोशन', क्रिस्तादास', 'सिरिवंत' म्हळ्ळ्या नांवाखाल मोटव्यो कथा बरयतालो. (जेरी लुवीस नांवाखाल हास्य बर्पां बरयतालो). सिरिवंताच्या कथेंनी सिरिवंताचें वेक्तित्व झळकतालें, सिरिवंत चड करून धार्मीक चिंत्पाचो, देकून ताच्या सभार कथेंनी सयत सांत–भक्त, देव–दयविकता, परिवर्तन (धर्मीक, संयबीक) चिंत्पाच्यो कथा परत परत वाचुंक मेळतात.

२००४ इस्वेंत दायज.कोम खातीर 'साहितिलागीं संवाद' अंकणांत विचारलेल्या 'सिरिवंत' म्हळ्ळ्या लिखणे नांवांतली काणी कसली? सवालाक ताची जाप जावनासली;

'म्हजें नांव सिरील, म्हाका एक लिखणे नांव जाय आसलें. तवळ हिंदी क्रिश्चियन नेम्स म्हळ्ळो एक बूक आसल्लो. तांतूं सिरील म्हळ्ळ्या नांवाक 'नरेश' आनी ताचो अर्थ ग्रेस्त मनीस म्हण दिल्लो. कन्नडांत 'सिरिवंत' म्हळ्यार कोंकणेक सिरिवंत जाव्येत म्हण भोगलें. हांव दुरबळो जावन उरलों तरयी, नांव मात्र 'ग्रेस्त' जालें.

बाब एडवीन जे. एफ. डिसोजाच्या उत्रांचो आधार घेतलो तर; "१९६७ इस्वेंत हांव पयलो सिरिवंताक भेटलों. तो एक प्रकाशक जावन, संपादक जावन, बर्पांत आसक्त दाकंवच्यांक सांगाता हाडच्यांत सिरिवंत जयतेवंत जाला. सबार लेककांचीं देणीं तालेंतां ताणे साण्याक धरल्यांत. ह्या पयकीं हांव एकलों."

सिरिवंताच्या मोटव्या कथेंनी पारिल्ली अन्येक तांत्रीक गजाल म्हळ्यार, मोटवी कथा कशी सुर्वात कर्ची आनी कशी संपणी कर्ची म्हळ्ळें जायत्यांनी म्हाका विचार्चें आसा. मोटवी कथेक कसलेंच फोर्मुला म्हळ्ळें ना. एडगर अलन पोच्या उत्रांनी सांगचें तर *'A narrative which can be read at one sitting of from half an hour to two hours and is limited to `` a certain unique or single effect'' to which every single detail is subordinate.'* हें व्याख्यान कांय शेंबोर वर्साधलें, त्ये उपरांत युरोपांतल्या साहित्यांत जांव, अमेरिकांतल्या साहित्यांत जांव, भारतीय साहित्यांत जांव खूब बदलावण जाल्या. रुपां–मापांनी, सभदा–अर्थांनी, उत्रावणी–शैलेनत लेगून बदलावण जाल्या.

सिरिवंताच्या चडताव समकाळीन कथाकारांच्या कथेंनी एक निर्दिश्ट कोन्सो आस्ता थंय थावन कथेची सुर्वात जावन एका अमक्या कोनश्यार कथा संप्ता. पारंपरीक पांवडार 'एका तेंपांत, एका गांवांत, एकलो राय आसलो......' अशी सुरू जावन अखेरीक 'सुखा संतोसान जियेवंक लागलीं' म्हळ्ळी संपणी आस्ता. ह्यो पारंपरीक (फ्ग्छत्ळत्ब्फ्न) कथा. पूण सिरिवंताच्या कथेंनी असली पारंपरिकता ना.

दुखां: कथा सुरू जाता 'रैल धांवतालें' थावन.
भविषयाचे वाटेन: कथा सुरू जाता 'एक शेड्ड आसल्लें' थावन.
मोगाची काणी: कथा सुरू जाता 'पोसटमेन तेणें आयलो. ती मार्केटीक वेताली' थावन.

अशें ५२ कथेंनी चडताव कथेंनी असलीच सुर्वात जाल्ली आमी पार्कुव्येत. सिरिवंताच्या कथेंचेर हांवें आडवें (Horizontal) अध्ययन केलां. कित्याक म्हळ्यार उभें (Vertical) अध्ययनाक कांय वर्स जाय पडत. कथापाठ दुस्रया शिंकळेंत विलफी रेबिंबसाच्या तीन कथेंचेर उभें (एका कथेक विंचून त्या कथेचेर खोलायेन) अध्ययन केल्लें. सिरिवंताच्या कथेंनी कुटमाचो खांबो, घराचो दिवो जावनासच्या आस्तुरेच्या पात्रांचेर तशेंच मौल्यांचेर फुडल्या वेबिनारांनी खोलायेचें अभ्यास आस्तेलें.

(जुलाय ८ तारिकेर आसा केल्ल्या कथापाठ चोवत्या शिंकळेच्या दुस्रया वेबिनारांत वल्ली क्वाड्रसान सादर केल्लो प्रबंध)

# सिरिवंताच्या कथेंत अस्तुरी




सिरिवंतालागीं चलयिल्ल्या एका संवादांत, कोंकणी भाषेवयर ताका आसच्या मोगा, अभिमानाची साय अशी दिषटीक पडता की, कोंकणेंत जायतें साहित्य पर्गट कर्चे आत्रेग तो उचार्ता. मोटव्या काणिये थंय तो मोगार पडला, आनी पत्रिकोद्यमांत युवजणांचें मेतेर्पण ताका खुषी कर्ता, अशें चड लोका थंय कोंकणी पावोंक जाय, म्हण खाल्तेपणान तो देख दिता. असल्या सिरिवंतान आपल्या लिखणे मोत्यां पुस्तकांत, बरयलेल्या जायत्या काणियांनी, वाचप्यांच्या गिन्यानाक कितें रुचीक आमृत फावो केलां तें चाकोंक हो एक अपूर्व अवकास अशें समजातां. लिखणे मोत्यांतल्यो विंचणार बारा काणियो घेवन हांव तुमचे मुखार आसां, सिरिवंता प्रकार कोंकणी अस्तुरेचें स्थान कितें, म्हण समजोंचे प्रयत्न अनी विचार तुमचे हुजीर दवर्तां.

## १. दुखां

हांतली अस्तुरी आसा प्रीमा. बस्साक राकोन रांवच्या साध्या लोका जम्या मधली, सोभीत, सरळ, आकरषीत चली. हिचे थंय आकर्शीत जावन तिचो गुपीत मोग केल्लो चलो, तिका कितेंच हिशारे दीनास्तां उत्तर भारताच्या रांचिंत वावराक वेता. लांब तीन वर्सांचो वावर जातच मोगाचे गुपीत उमाळे काळजांत घेवून, त्याच बस स्टोपाक तो तिच्या सोदनेर पावता. तिका पळेवन खूब आनंद भग्ता तो पूण तिचे थंय बदलावण जाल्लेली देख्ता. आतां ती आदली प्रीमा न्हय आसल्ली. माणसुगेची प्रीमा, परिस्थितेक लागोन, आपले इषटिणिच्ये भुलवणेक पिस्वोन, वेश्या जावन बदलाल्ली आस्ता.

हें जिरवन घेंवच्याक तो सकाना. तिचो पाटलाव करून ती रांवचे होटेला परयान वेता. आपूण तिचो कितलो मोग कर्तां म्हणता, तूं कित्याक अशें जालेंय म्हण रडता. निमणें तुज्या हाताचो एक उमो तरी घेवंक दी, म्हण उमो घेवन दुखीन भायर येता. तवळ तियी चड दूख पावता. पूण वेळ उत्राल्लो आस्ता. स्त्रीयेच्या चंचल स्वभावाक

सिरिवंत हांगा वाचप्याचे हातीं दिता. चली कितली मासूम, कशी ती एका खिणान, हेरांच्या प्रभावाक वळग जातेली, समाजेंत कितलो नषट भग्तेली ही काळजी काण्येंत दिसोन येता.

## २. धन्यागेली सयरीक

लीना दुरबळ्या कुटमांतली चली, ह्या काणियेंतली स्त्री. वाडोन येंवचें भुर्गें तें, आवय बापयक दोती खातीर पयशे जमंवचे समस्यांक कारण जाता. कोण कोणालागीं रीण मागचें कुटाम, अयलेल्यो चडावत सयरिको चुकोन वेतात. ह्या वेळीं व्हडिलांचे हाल, मार्मीक रितीन चित्रीत जाल्यात. लीनाचें मोगाळ व्यक्तित्व, नाजूक, खाल्ती चली ती. सयरीक चुकली म्हणताना, बापूय दुमगा, एका दिसा खंतिषट जावून, "तूं सिसटर जा पुता लीना, ह्या संसाराचे कषट तुका नाकात. सगळे पळेवन वेतात, दोतिवीण कोणी हुंगाना " म्हण आपलीं भगणां भायर वोत्ता. लीना हीं उत्रां गंभीरायेन घेता. पयस शिकोंक गेल्लो ताच्या धनियाचो (सावकाराचो) पूत गांवाक येता आनी धनी, दुमगालागीं आपल्या पुताक लिनाचो हात विचार्ता. खुशेन फूगल्लो दुमगा, घरा एवन विषय बायलेलागीं सांग्ता तर, लीना कोन्वेंटाक माद्र जावंक वेचो निर्धार कळयता. बापूय चुर्चुरे भग्ता. दोत समाजेक कशें अडचून धर्ता आनी लोकाक कषट दिता तें, ह्या वर्वीं चलियेचे कोणाक समजानासचे समस्ये सिरिवंत वाचप्याहातीं सोडता.

लीनान धयरान फुडाराची विंचवण केल्ली रीत तिचें घट मन, जोक्तो निर्धार, कुटमाक समाजेक भार जायना जांवचे तसलें चिंताप, सिरिवंत सोभीत रितीन स्त्रियेची तांक समजायता.

## ३. मरीया

अवचीत रसत्यार चमकोन वेच्ये स्त्रिये थंय आकर्शीत जावन, निमणे तरी तिका आपणावंक सकानासचे वेक्ती भंवारी विणलेली काणी मरीया.

प्रिंटिंगाचो वावर तो कर्तालो, एका दफ्तरांत मरीयाक भेटता. असल्या भेटेंनी तांचेमधें मोग किरलाता.

ह्या मधें भलायकी भिगडोन तो, आपले भयणी सर्शीं मुंबय पावता. दोन वर्सां उपरांत गावाक आयलोलो तो, मातशें भंवोन येंवच्याक रसत्याक पावताना, ल्हान एका भुर्ग्यासंगीं सोभीत स्त्री चमकोन आस्ता, तो पळेता, लागीं वेताना, तिका ओळकाता. ह्या काणिये भितर एक काणी आसा. प्रेस्सांत येंवच्या काणिया पयकी,

हाणे बरयलेली एक काणी आसल्ली जी ह्या चलियेच्या जिविता सार्कीच जावंक पावल्ली. ह्या काणियेंत मोगार पडलेल्या जोड्या मधें वेगळाचार घडल्लो.आनी गर्भेस्त जाल्ले चलियेक चल्यान पयस केल्लें. अशेंच मरियाच्या जिण्येंत घडल्लें एक विशेस जावंक पावल्लें.

हो बोंबै गेल्या उपरांत, मरिया अंकवार आवय जालेली, तिचो मोग केलेल्यान, तिका आपणावंक इनकार केल्ली. आपल्या बाळाखातीर ती अंकवारच उरली. हें जाणा जालल्लो प्रेस्साचें काम कर्चो चलो, अपणे बरयिल्ली काणी मरियाचे जिण्येंत खरी जाल्ली देखोन बेजार पावता. पूण मरिया, आपल्या बाळाक गर्भा थावन किमचुंक व कोणाक पोसकें करुंक दीना, बदलाक खूद आपल्या सुखाचें त्याग कर्ता बाळा पासून. हें धयर स्त्रीयेक मात्र आसा हें सिरिवंत कळयता.

## ४. ती आवय

एक्ये आवयचें मोल समजुंचे दिशेन, उज्वाड फांकवपी काणी आसा 'ती आवय' रयल गाड्येर पयणाक दोग युवक स्टेशनाक पावतात. थंयसर एक मातारी आवय, ह्या युवकांक च पळेवन आस्ता. एकलो तिका फूड करुंक जायनास्ता लिप्ता, ताका ती आपली अवय म्हण ओळकोंक लज. अन्येकलो युवक, ती कित्याक आपणाक अशें देख्ता, म्हण चिंतुंक पडता. अपरिचीत युवक रयला पयणार ओळकिचे जातात. एकलो अमेरिकाक वेचो आपलो पात्तो आन्येकल्याक दिता. तो पयणार उदास आस्ता. आपापलें स्टेशन येताना दोगयी विंगड जातात. पयणा वेळीं निवस पेपरार 'आवयचें काळी' म्हण एक घडीत वाचलेलें ताणीं, हांतू एक आवय आपलो एक दोळो विकून पुताक शिकोंक अधार जाल्ली. थोड्या महिन्यानीं, आमेरिका पावल्लो युवक अन्येकल्याक पत्र लिख्ता आपणाची आवय देवाधीन जाली. त्या दिसा रेयल वे स्टेशनांत, उभे रावून पळेंवची असहायक आवय अंतरल्ली.

एकल्याच्ये अवयचे मरणांत अन्येकल्याक आवयचें मोल कळ्ळें म्हणता सिरिवंत. आवयक मोल बांधुंक असाध्य. सिरिवंतान ह्या काणियेंत एक अवय, अपल्या भुर्ग्यांक आपलेच विस्वे विकून तरी फुडाराक पावंवची त्याग मूर्ती अशें तिका गौरव पाठयता.

## ५. काजाराक जाल्ली चली

ह्या काणियेचो एक पात्र सिरिवंत म्हणच आसा. काण्येची कथावस्त दोत. वाडोन रावल्ल्ये चलियेक येंवच्यो सयरिको सेजार्न फुलाबायेन चुकंवचे सन्निवेश हांगा बर्पूर. स्त्रीयेच्ये विभिन्न दोन दिश्टावे हांगा असात. एक वाडोन रावल्ली चली. आन्येक तिच्या मोस्रान सयरीक चुकंवची सेजार्न.

चलियेची बापूय दुरबळो. हकीकत जाणा जाल्लो काण्येंतलो सिरिवंत, चालाकेन आपल्या एका बरया इषटाच्या पुता संगीं ह्या चलियेचें लग्न करयता. तिका आपल्या बापायच्या घराथावन च भायर हाडन, मावशेगेर राववन, सेजार्नीक कळानासले रितीर लग्न जाता. मोसोर फट खबरो कशें स्त्रीयेक स्त्रीच विरोधी करुंक काराण जाता, ह्या वर्वीं मासूम चलियो, तांचें कुटाम कितल्या कषटांक सांपडता, हें सिरिवंत सूक्ष्म रितीन कळयता.

## ६. मोली आनी जासिंता

ह्या काणियेंत एका गुपीत मोगाची परीक्षा जांवची गजाल आसा. मेलवीन पयशिल्या गावांत सयनांत भर्ती जाल्लो. मोली सेजार्चें, मोगाळ भुर्गें, मेलविनाच्ये आवयन कुमकेक पावतालें. रजेर आयिल्ल्या मेलविनाक आवयन तेंच तुका जोक्ती होकाल अशें संदेश दिल्लो. रजा संपवन पाटीं गेलो मेलवीन, फुडल्या रजेर येताना मोली लागीं काजार कर्चो प्रस्ताप तिणें कागदार तिका कळयिल्लो. हेणें मावशी एकली आपल्या सोभीत धुवे जासिंताची सयरीक घेवन मेलविनागेर आयली. सोभायेचें कणस. ताका देखोन मेलवीन भुल्लो. पूण अवचीत ताका झुजाक आपवभे आयलें. झुजांत ताचो पांय मोडलो म्हण खबार पावली.

अतां खरया मोगाची परीक्षा जांवची घडी. मावशी खबार आयकोन ह्या कुशीक आयलीच ना. मोली मात्र पांय मोडलेल्या मेलविनाच्ये सेवेक तयार रावलें. मेलवीन गांवाक पावलो. ताचो पांय सार्कोच आसल्लो. जोक्त्या चलियेच्या विंचवणेंत तो जीकल्लो. मोलिचो निस्वार्थ, जासिंता आनी मावशेचो स्वार्थ समाजेंत असलिंय आसात, म्हळ्ळें सिरिवंत दाखवन दिता. समर्पीत मोग दाखंवचीं मोली तसलीं, बरीं कुटमां बांधून हाडतात.

## ७. कुमारी मारलीन सोफी

मेट्रीक अखेर केल्ल्या टायपिंग जाणा आसच्या अंकवार चलियेची दफ्तराक गर्ज आसा म्हण एकलो जाहिरात दिता. चली अंकवार च कित्याक, उपरांत तिचेलागिंच

तो लग्न जातलो, ही ताची मांडावळ. जाहिराताक आयिल्ल्या जापिंनी कुमारी कोणच दिसलिंनांत. जायतेदीस राकोन एक दिसा कुमारी मारलीन सोफीन कागाद बरयलें. तिका थापुडताप कामाक आपयलें. केबिनाचें दार उग्तें कर्न ती भितर येता तर कितें पळेंवचें?. पन्नास वर्सांची स्त्री आयिल्ली. गुणेस्त, अनभोगी, युवकांक उत्तेजन दिंवची तिच्या गुणांक धनी मेचवालो. आपणे जाहीरात दिताना आसल्लो उद्देश तिका सभार तेंपा उपरांत सांग्ताना ती, हासोंक लागली.

भायलो वेस व सुरूप पळेवन निर्धाराक येंवचे प्रास, स्त्रीयेक सार्कें समजोन ओळकोन, स्विकार कर्चें गर्ज. पर्जळचें सगळें भांगार म्हणोंक जायना न्हयवे?. तिच्ये विंचणुकेंतयी जाग्रूत आसचो हिशारो सिरिवंत ह्या काणियेंत दिता.

## ८.स्त्रीयांची सायकोलोजी

ह्या काणियेंत स्त्रीयांक इल्लो मोसोर चड म्हणता सिरिवंत. लग्न जावन साडे धा दीस जायजे तर, तोंड फुगवन रागार जाल्ले विन्निची काणी ही. कारण समजानासलेल्या घोवान स्त्रीयांची सायकोलोजी समजोंचो बूक वाचुंक धरल्लें स्वारस्य ह्या काणियेंत आसा. सेजार्चें लता, विन्निच्या घोवालागीं उग्त्यान हासोन उलयिल्लें, बाजाराक म्हण गेल्ले वेळीं ताका चड महत्व दिल्लें, विन्नीक एकल्याकच घरा पाटीं धाडल्लें ह्या कारणांक लागोन तीन दीस विन्नीन मौन वृत धरल्लो. उपरांत लता सांगाता आयिल्ल्या आपल्या ओळकिच्या चल्या संगीं सळावळीन उलवन, विन्नी फारिकपण घेतल्लें घडीत, स्त्री आपलो निसकळ मोग हेरांलागीं वांटुंक बिल्कूल तयार आसाना म्हळ्ळें सिरिवंत परिपकव रितीन ह्या काणियेंत नटवाशें कर्ता.

## ९. आवयची आशा

काणियेंतली आवय आनेबाय. लुवी एकलोच पूत. सेजारयांच्या शेतांनी वावूर्न पुताक सां लुवीस कोलेजिंत बिकोम शिकवंक पावल्ली ती. शेरांत शिकच्या पुताची खूब खंत तिका. पाड भुर्ग्यांची सळावळ भी करीत म्हण. पूण पाद्रीं संगीं बरें जेवाण, मागणे आसा तें पळेवन संतोस पावल्ली ती.

सेजार्ची मोकुबाय, अपले धुवे रिताचें लग्न लुवी संगीं जावंक आशेल्ली. तो दीस लुवी घरा येंवचो. आनेबायेन सारबारायेन राकोन रावोन, जेवाण भी वाडन, उलवण्याक बुन्याद घाली. शिकोन जालें व अनिकी असा?.

शिकचें जाल्यार अनिकी असा मां, पूण सांग पुता.. माका कितले कषट जाल्यारी.....

ती राकोन रावली.

लुवी म्हणालो, मां, हावें देवाच्चे चाक्रेक वेचें म्हण चिंतलां... आनेबाय खुशेन रडली.

एक्ये साधी आवयचीं भगणां सिरिवंतान आमचे मुखार घडसिल्यांत. व्हड व्हड सोपणां आशेंवच्या आवयां प्रास, एका साध्या, कषटांत सुधार्सून व्हर्च्या, मोगाळ आनी निस्वार्थी आवयचें काळीज हांगा सिरिवंत उग्तें दवर्ता. असल्यो आवयो समाजिच्चे दिवे म्हण्येत.

## १०.तुजें कापाड भिजलां

ग्रेस्त दादलो एकलो मोलाधीज वस्तू आनी वसत्रां घेवंक व्हड अंगडिंक वेता. घरांत कुसोन वेच्ये तितलें आसल्यारयी परत घेंवचो होरबोस. वाटेर मेळ्ळो एक ईषट. दोगयी फिल्माक गेले. सांज जायीत आयली. काळोक पाचारलो. पावस बिरबिरोंक लागलो. पयशिल्यान एक लांप्यांव उमकाळावन एक साधी दुरबळी स्त्री त्या वाटेन आयली. तिच्ये बराबर हो यी मेटां काडिलागलो. एक ल्हान भुर्गोय तिच्या हाताक धरून चल्तालो.

मां तुजें कापाड भिजलां आज हांवे कितें पांगुर्चें? भुग्र्याचीं उत्रां ग्रेस्ताच्या कानाक आपटालीं. ती रात सगळी तो निदोंक सकलोना. दुस्रे दिसा सांजे वेळा तिच्या येण्याक राकलो तो. ती लांप्यांव घेवन आयली त्याच वाटेन. आज भुर्गो नातलो. तिचो पाटलाव केलो ताणे. मात्सें फुडें वेतच उलयलो तिचेलागीं. आज भुर्गो कितें ना?. ताप. जाप दिली तिणें. भीजल्लें कापाड पांग्रोन नीद ल्ल्या बाळाक ताप आयिल्लो. ह्या मनश्या धा रुप्यांचो नोट तिच्या हातीं दिलो. काल्चो संदर्भ तिका समजायलो. ह्या दुरबळेन आपलें अस्थित्व च विस्रोन बाळाक वागंवचें सन्निवेश वाचप्या हातीं दिलां. त्याग मूर्ती आवय, आपल्या पोटाचें विस्रोन भुग्र्यां खातीर उपासीं नीद ल्लीं निदर्शनां आमच्या समाजेंत उणीं नांत. आवय ती आवय च. आपणाक विस्रोन आपल्या बाळां खातीर जियेंवचें तिका मात्र साध्य.

## ११.मोलिचे दोळे

वाहन अवघडांत आपले दोळे होगडावन घेतल्लें ल्हानशें बाळ मोली, परत पाटीं आपली दीषट घेवंक पावत या ना, असली संधिग्ध स्थिती कुटमाक.

बापूय विधूर. बायलेच्या मरणा उपरांत देवाचेर विश्वासच सांडुंक पावल्लो. नेणतुलें मोली दोळ्यांक ब्यांडेज बांधून, ओपरेषनाक तयार जालां. दाक्तेर परयांत, ताची दीषट पाटी मेळात म्हण सांगोंक कषटोन आसात. मोलीक पयल्या कुमगाराक थोडेच दीस बाकी उरल्यात. भोव उल्लासान तें सोम्याक घेवंक, आपल्या मोगाच्यांलागीं आत्रेग उचारून आसा.

मिसा आधीं ताका पाद्रीन कुमगार आस्पत्रेकच हाडचें म्हण निर्धार कर्तात. मोली भोव खुशेन, देवाक पळेवंक सक्ता अनी ताची दीषट ताका पाटीं मेळता मात्र नैं बापूय परत पाटीं पर्ताता आनी आस्तीक जावंक पावता.

नेणत्या मोलिचीं उत्रां, जाणत्या बापायच्या परिवर्तनाक काराण जालीं. जांव ती जाणती व नेणती स्त्री परिवर्तनेचें साधन जाता म्हळ्ळें सिरिवंत ह्या काणियेंत रुजू कर्ता.

## १२.निरीक्षा

एक दादलो आनी लग्नाक तयार जाल्ली चली रयला पयणार एकामेका ओळकिचीं जातात. ती ओळोक अशी जाता की तो पयशिल्या गांवचो, हिच्या गांवाक भंवोंक आयिल्लो. ह्या गांवच्या प्रेक्षणीय जाग्यांक आपवन वरुंक तो, ह्या चलियेची कुमोक विचार्ता. ती पाटीं फुडे कांय चिंतिनास्तां ताका सांगात दीवंक ओप्ता. थोडे दीस तीं भंवतात. जायते जागे वीक्षण कर्तात. सांगाता जेवतात. ती घर्चो कुस्वार ताचे संगीं वांटून घेता. तो तिका मोगाची काणीक दिता. निमाणे तो एका दिसा पाटीं वेता. चलियेन ताचो पात्तो परयांत विचार्न घेतललो ना. तो गेल्या उपरांत ती चुर्चुरे भगता. परत केन्ना तरी तो मेळात म्हळ्ळी निरीक्षा घेवन.

# संपंवचे फुडें:

चडावत रयलाचीं पयणां, साधें जिवीत, सरळ संभाषणां, साधीं नावां, थोडेकडे आपलिंच नांवा, सिरिवंतान काणियांनी वापरलेलीं दिस्तात. थोड्यो मात्र काणियो विंचून अध्ययन हावें केल्लें आसा जें तुमचे फुडें दवरलां.

ह्या काणियांनी स्त्रीयेच्ये जायते गूण, नाजूक स्वभाव, तो उत्रांच्ये धारीर बसयता. बळवंत स्त्रीयेकय ताणे आमचे हुजीर उभी केल्या. मोली तसल्या नेणतुल्या बाळाकय काणिये भितर हाडल्या. समाजेंत तिचो पात्र, कुटमा रचनेंत तिचें बळ, तिका मेळचे त्रास, जे ती खांद मारून सभारांचे जिवीत रुपीत कर्ता, हें सिरिवंत आपल्या काणियांनी भोव सोभीत रुपानीं, वाचप्यांक वाडता. तिच्या मोलाधीक गुणांक, साहित्याच्या थिकांचो सुंर्गार करून, अख्या स्त्री वर्गाक मान पाठयिल्ल्या सिरिवंत तुका सर्व वाचप्यां तर्फेन मान अर्पितां.

(जुलाय १५ तारिकेर आसा केल्ल्या कथापाठ चोवत्या शिंकळेच्या तिस्रया वेबिनारांत फेल्सो लोबोन सादर केल्लो प्रबंध)

# जेरी लुवीस (सिरिवंताचीं) हास्य बर्पां




चरित्रेचीं पानां उसतिल्यार मात्र त्या काळाच्या व्यवस्थेविशीं जणां जाव्येत. हें अधीक कर्न बरपा साहित्यांक चडीत मापान समजोंक सक्तांव.

बांदपा कलाकृती कांय थोड्या काळाक उरोन क्रमेण नास जावन वच्येत तर बरपा साहिती केदनांच अळवोन वा पूरवोन वेच्ये संधरब भोव विरळ. भोव वर्त्या रीतीन जोगासान केल्यार मुकल्या पिळगेक तीं देणीं जावून ऊरता. ह्या दिशेन सिरिवंताची देणें जरूर आसा म्हळ्यार चूक जांवचीं नां. ताचें बरवप आमीं अजून वाचून आसांव आनीं कांय थोड्या कोंकणी साहीत मोगिनीं सांबाळन दवरलां म्हळ्यार तीच एक ग्रेस्तकाय.

**जेरी लुवीस** लिखणे नांवाखाल सिरिवंताचें ’**जिवितांतलो तमासो**’ म्हळ्ळें अंकण राकणो नेमाळ्याचेर पर्गटून येतालें. तांतल्या थोड्या बर्पांचेर केल्लें म्हजें अध्ययन हें

## १. रिटायरड होम

सर्व माल्गडे एकल्या वर्नी एकलो सवाय बुद्वोंत. रिटायरड जाल्ले उपरांत घरभर जांवची साध्यता चडच. घर्च्यानीं हांचें तात्सार कर्चेय आसान्हयगी? त्या खातीर रिटायड होमानीं हांची वस्ती. हांचो रगताचो गूण खैं गेल्यारी बदलनां म्हण ह्या लेखनांत दाकोवन दिलां. भोव चतुरायेन बागला बायल्यान सिदा पाशार जांवच्या व्यक्ती विशीं कसलो मनोभाव रुता केला पळेया. तो ताचे इतल्या वेचो हाका भितर ताच्या सांगात्या सवें उलोवन आस्तानां आदाळ्ळें म्हाका कळानां. हांगासर सिरिवंतान कांय थोड्या व्यक्तिचें हणेबरवप उटवन दाखयलां. कोणाक कोण कशें समाजेंत म्हणतात म्हण उग्त्यान पिंत्रायला. अनेकलो हाका बुद्वोंत हाका उपाय सांगोन दिता. हें एक हासोंक कर्चे प्रसंग. स्वार्थयी दिसोन येता.

म्हजें न्हय जाल्ले कडे, म्हजी कूड म्हजें बेड इतर संगती. हांगा जिण्येक एक लिसांव सयत आसा आशें चिंतचे जीवंत आस्तानां मात्र. कूड दांपून वच तुंच भायर म्हणचे कितलें सार्कें? ल्हान ल्हान संगती चिंत्पाक इडे दितात.

## २. डबल कंग्राटस

एक गंभीर विशय नाटकाचे पात्रादारिनीं वास्तविकता चित्रण करुंक कितें सक्कड तयार कर्तात तें सोभीत करून विवरून दिलां. पात्रधारीक अभिनंदन पाटोंवचे एक क्रम तर त्या पात्रधारीक पार्कुंक थंयसर आसलेल्या एकल्याकी जावंकना. तें विपारयास. समाजेंत अशेंच घडता म्हण दाखोवन दिंवचे हें हास्य बरवप सिरिवंतान सोभीत दृषटांता मुखांत्र विवरिलां वास्तविकता अजून चल्चे तसलीं घडितां तें पार्कुंचे आनी तांतून हासो लांवची कला सिज्येस आनी सिरिवंताच्या रगता गूणांत आसल्लो म्हण्येत.

## ३. छाप्याचो देंवचार

म्हळ्या हास्य बरपांत फरामस जाल्लें घडीत सयत लोकाच्या गुमानांक हाडल्लें दिस्ता. एका आक्षराक या कुरूक लागोन कितें सक्कड गुस्पोड गोंदोळ जाता ताचे निदर्शन ताणें सविस्तार दाकोवन दिलां एका संपादकाची या पर्गटदाराची जवाब्दारी कितले आसा तें दाकोवन दिलां.

त्या कालार टैपां घुडसून कंपोंज केल्लीं टैपां तशिंच बांदून धवरून दुस्रया हफ्त्याक तिंच भायर काडून जाहिरातां छापिजे पडतालीं. बांदून दवरल्ले कडे सुटैताना ल्हान ल्हान कुरू हालोन लागोन तेवशीन हेवशीन जाल्ले तर जाली गत. ओत्तू निस्रोन वचोन जाल्ली पजीत हास्य रुपार पिंत्रायला तरी तो एक गंभीर विषय मात्र न्हय कितली जवाब्दारी आसा तें काम कितल्या कषटांचे म्हण दाखोवन दिंवचें ल्हान प्रयत्न सिरिवंतनान सोसणिकायीन केलां.

## ४.क्लासिंत पेटे

एक हास्य बरवप पेटे मनश्यान पोसची मोगाची आनी गर्जेची मनजात. मनश्यान मोग दाखयल्यार ते रिणकारी जायनांत म्हळ्या दृषटांत हास्य रुपार.

क्लास रूमांत जांवचे आनी कालेजिच्या भोंवारी जांवचे लपडे ते कांय अनिरीक्षीत कांय न्हय तरी ते सविस्तार विवरण दिंवचें आसा, पळे ते एक

सोसणिकायेचे निदर्शन म्हण्येत ती तांक सिरिवंताची. भोव सादो मनीस म्हण ह्या बरपानीं कळता.

## ५.विरारायेक ओकत

म्हळ्ळे बरवप चार वोळिंचे तरी हासो हाडोंवचे प्रसंग 'वेची वाट म्हण बरयलें फलक सदांच एका पिंवड्याक धोस्तालें सदांची वाट परत 'वेची वाट' म्हण बरैलें देक्ताना हाची मत विरार जावंक या हाकाच हल्कुंची म्हण भोगलें. खाली आसच्या त्या बोर्डाच्या सकयल्या कुशीन 'खंय' सरगाक व यमकोंडाक!

इतलीच ही काणी ल्हान विषय थोड्या उत्रांनी बरैल्लें सबार संगती आटाप्ता. म्हणच्याकी चिंतुंक आवकास करून दिता.

आमी ल्हान ल्हान संगती चिल्लर करन सोडतांव. पूण सिरिवंट तसो न्हय हरयेक बरया रुपार घाल्तालो. मुखल्या पिळगेक ही एक देणें म्हण्येत.

## ६. घुस्पड

त्या कालार फोना नातलीं हळ्ळेचो लोक सिटीक वेतानां भोगचें आनंद सोभीत करून पिंत्रायला. तांतून त्या आदल्या बस्सांची स्थिती धर धर दाखयला. आमच्या भुर्ग्यापणाचे उगडास मती पडद्यार पाशार जाताशें भोगलां. गाड्यो स्टार्ट जायनांत तर लोटून मुकार वरून चालू कर्ची सर्वांचो सांगात, एकवोट, हांव ल्हान व्हड तूं ल्हान तूं कामगार, हांव आफिसर म्हळ्ळो बेद हांगा झळकानां सक्कड एकच समान म्हळ्ळो मनोभाव आदल्या काळार आसल्लो. हेरांचो खंत हुसको काडचो तांचे कषट जाणा जांवचें तांच्या कुमकेक पावलें सदांच्या जिण्येंत दिसोन येता. तंत्रज्ञानाची खबार नातल्या साद्या मनश्यांक बोनेट उग्तें करून कितें कर्ता म्हळ्ळें नेणार्पण उकलून धर्ता. बस्सार बसलेले मानाय न्हय आस्ता उबे आसलेलेय बस्साच्या जडायेक कारण जाल्यात ते हांगा दाखोवन दिला.

ल्हान ल्हान संगती उकलून धरची शाती सिरिवंताची म्हण्येत तो कितलो सुक्षीम चिंत्पाचो, सोसणिकायेचो मनीस. एक बरवप अपणेंच उबजाना ताका अनुभव गर्ज तो अनुभव उत्रांनी पाटोवंक जाणतें कांय गर्ज आसा तीयी एक हास्य बरपारुपार हाडुंक एका रितिची कला गर्ज आसा. ती एक स्वंत कला म्हण्येत, खैंसरी शिकोंक मेळनां, आपल्याच चिंत्पा संगतेक धार धरल्ले शिवाय तें झळकानां. या बरपा रूपाक येना. सिरिवंतान इतले बरैलां तर ताका खंत, नषट नातली म्हण न्हय. खंती दुखी

मधेंय बरोवना. आपलें सक्कड नषट खंत बेजाराय विस्रोन सोडतालो. हे एक बरेंच म्हण्येत. थोडे बेजाराय वचोंक, खंत विस्रोंक पियेतात, धुवर सोडतात, भोंवतात, पोदां म्हणतात, संगीत आयकतात. अशेंच बरवपयी एक वाट. अपूण संतोसान असोंक म्हण्येत.

ह्या हास्य बरपांत 'घुस्पड' एक काराण दिलां. त्या मानेस्तान हाच्या घरची वाट दाखयली बस्सार थावन देंवताना एकाच सिटीर बस्तानां कुशीन आसलेल्या लागीं उलोंवची हळ्ळेच्या मनश्यांच्या रगतांत आसचो गूण. एक दीस ताच्या घरा वेचो दीस उदेलो. पुर्सोतेर आमगेर ये म्हळ्या उल्याक पाळो दीवन हो आयिल्लो, पूण दुस्रयाच घर्चें धार थापुडलें. जाली घुस्पड हांगा त्या प्रायेस्त मानेस्ताचें नांव विचारुंक हो विस्रून गेल्लो, हेंय एक हास्य विषय. हळ्ळेंत असले सामान्य जावन घुडतालें तर पेंटेंत ओळोक सांगोंक वापारल्यो. कुरू कितेंच उपकाराक पडानांत म्हण वाचल्याक हांगासर जाग्वोण दिता. बदलावण कितल्या म ार कठोर आसा हरेकल्यांक जाणां जावंक हें एक घडीत पावता.

देकून काळातेकीत बदलावण आमच्या जिण्येंत रुता करिजे आधुनिकरण कितल्या वेगीं जाता तशेंच आमियी सदांच सर्वांक तयार आसाजे.

विशाल संसारांत आमी बांयचे मागणें जावंक साध्य नां तें सिरिवंताक त्या काळारच कळीत आसल्लें आनीं तो लोकांक ह्या रितीन शिकवण दितालो म्हण्येत.

सबार हास्य बर्पां तांची आसात तरी थोडी बर्पां मात्र हांवे विंचलेली आसात.

## अकेर करचा फुडें:

सिरिवंताच्या हास्य बरपानीं जिण्ये चरिता आसा नीज घडितां झळकातात कांय जणांक हो तमासो, हास्य म्हण भोगात, पूण लिसांव जायतें आसा. सबार कडे आमचे चाल कशी आसा? आसल्या चालिचे आमी म्हण हांगासार आमी गुमानांत घेवंक तसले विवर दितात. आसले समस्ये आदिंय घडल्यात मुखारियी घडताले. आतांयी घडतात, पूण ते नाजूक रीतीन पार्कून बरोंवचे देणें, सोसणिकाय, कांय सबारांक आमकां नां म्हण्येत, आदीं टी.वी आनी इतर तांत्रीक माध्यमां नातलेल्या वेळा या पयशिल्या पयणाक या गांवाची भेट करुंक पावट नातलेल्या वेळा हेर जाग्याची भेटे विशीं थंयचो परिसर, खाण, जीवन चरित्राविशीं विवर दितानां त्याच

गांवांत आमी आसांव म्हणचे चिंताप, भोगाप वाचतेल्याक मेळतालें. त्या काळार आसलीं बर्पां जरूर लोकांक पावतालीं, रुचतालीं आनी आवडतालीं. लोक बरयान खायस कर्तालो. पूण आयची परिगत तशें कांय नां तरी तीं बरपा चरित्रेच्या पानानीं मनश्यां काळजांनी पिचार जाल्यांत खंडीत.

(जुलाय २२ तारिकेर आसा केल्ल्या कथापाठ चोवत्या शिंकळेच्या चोवत्या वेबिनारांत फ्लाविया आलबुकर्कान सादर केल्लो प्रबंध)

आशावादी प्रकाशन

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे